Akashwani Panaji Regional news

7.25 am

RASHMI

गोवा पुस्तक महोत्सवांतल्या चवथ्या दिसा साहित्य, इतिहास, कायदो, भास, आनी गिन्यानाच्या फुडारा मदल्यान गिरेस्त प्रवासाचें उतर दिवन देशांतले कांय कुशळ व्यक्तिमत्व एकठांय आयले .Author's Corner, ह्या "Stories of the Soul: Life, Death, and What Endures," ह्या सत्रांत लेखिका मेधा खासगीवाले हांणी संजय चक्रणे हांचे वांगडा संवाद सादतना मनशाक मरणाची भिरांत कित्याक आसता आनी हो भंय फकत भौतिक कुडी कडेन स्वताची वळख करपाक कसो रुजला हाची तपासणी केली.ताचे उपरांत "Moving Towards Digital Library" ह्या सत्रांत गोंय सेंट्रल लायब्ररीचे संग्रहालयपाल DR सुशांत तांडेल हांणी फुडाकार घेतलो आनी वाचपाच्यो संवय कशी वाडत आसात आनी बदलत्या काळाक लायब्ररींनी कशी जुळोवंक जाय हाचेर भासाभास केली. फुडल्या सत्रांत, "अणकार आनी सुलभताय: साहित्य समावेशक करप" हातूंत एआय सयत अणकार आनी तंत्रगिन्यान साहित्याक विंगड विंगड प्रेक्षकांक चड सुलभ कशें करूं येता हाचो अभ्यास केलो.पूर्णानंद चारी हांचे कडेन संवाद सादतना गोपीनाथ विष्णु गावास हांणी एआय साधनां अणकार आनी आशय अनुकूलनांत कशीं मदत करूंक शकतात हाचेर भर दिलो

रश्मी 210

2026-2047 ह्या काळात भारताच्या उदरगतीचो विचार करून केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सितारामण हाणी सादर केल्लो अर्थसंकल्प विकसित भारताची घटमुट बुनयाद रोवपी आसा अशे मत केंद्रीय बायलां आनी भुरगी खात्याची मंत्री अन्नपुर्णा देवी यादव हीणे व्यक्त केला.पणजे भाजप मुख्यालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार ती उलयताली. गोंयाक पर्यटन,sea food export तशेंच शेतकी मळार

केंद्रीय अर्थसंकल्पात केल्ल्या तरतुदीचो फायदो जातलो असो विस्वास मंत्री अन्नपुर्णा देवी यादव हीणे व्यक्त केला.Byte: Annapurna

गोंयचे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांचेकडेन आपले ह्या भेटीदरम्यान उलवप जाला.ह्यावेळार गोंयच्या बायल आनी भुरगी खात्याच्या कामाचो नियाळ आपणे घेतला.तांतुन अंगणवाडी केंद्र,भुरग्यांक सरकाराकडल्यान दीतात तो पुश्टीक आहार,बिगर गोयकारांक अंगणवाडी वरवी केंद्र सरकाराकडल्यान दीवपी येवजण्यांच्या लावांवीशी चर्चा जाली अशी म्हायती ताणी दील्या.

130 GANESH
गोंयची जमीन आनी वळख राखपा खातीर संसदेंत संविधान सुदारणां विधेयक २०२५ मांडलां. ह्या विधेयका वरवीं गोंय राज्या खातीर अनुच्छेद ३७१ (I) सुदारणां करून गोंय शाश्वत उदरगत मंडळाची स्थापना करतले. खंयचेंय सरकार आसूं ताका ह्या मंडळान घेतिल्ल्या निर्णयाक बांदील रावचें पडटलें, अशी म्हायती दक्षीण गोंय खासदार विरीयातो फर्नांडीस हांणी दिल्ली.दिल्ली कॉंग्रेस मुख्यालयांत आपयिल्ले पत्रकार परिशदेंत ते उलयताले. ह्या वेळार गोंय कॉंग्रेस प्रभारी माणीकराव ठाकरे आनी गोंय कॉंग्रेस प्रदेशाध्यक्ष अमित पाटकार हाजीर आशिल्ले. संविधानाचे अनुच्छेद ३७१ खाला राज्याक आपली वळख आनी जागो राखून दवरपाचो हक्क आसा आनी ३७१ (ख) ह्या कलमा खाला गोंय राज्याचो आस्पाव आसा. ५ डिसेंबर २०२५त हें विधेयक संसदेंत दाखल केलां. कांय काळा उपरांत हें विधेयक लोकसभा आनी राज्यसभेंत समंती खातीर येतलें. हे विधेयकाक तेंको दिवपा खातीर आमी सगळ्या विरोधी पक्षा वांगडा चर्चा करतात, अशें विरियातो फर्नांडीस हांणी सांगलें.

सुभाष 40
गोवा पुस्तक महोत्सव एक बऱ्यातलो बरो महोत्सव आसा आनी ताका सगळ्यांनी भेट दिवंची असो उलो नामनेची लेखिका प्रा. माधुरी शानभाग हांणी मारला. महिलांनी तर व्हडा संख्येन येवन हो पुस्तक महोत्सव पळोवंचो , आपल्या आवडीची पुस्तकां विकत घेवंची अशें तांणी मागला
बायट - माधुरी शानभाग

स्पोर्ट्स 40

भारत आनी श्रीलंका संयुक्तपणान आयोजीत करपी आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 विश्वचषक 2026 सुरू जाली . पाकिस्तान आनी नेदर्लंड्स हांचे मदली सुरवातीची मॅच कोलंबोच्या सिंहली स्पोर्ट्स क्लबांत जाली .

वेदर 30

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 35.6 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 19.8 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले